<u>लोकोत्सव 2018-हस्तकला आनी खावपाचे जीन्नस विकपी स्टॉलांखातीर अर्ज</u>

ता. 22 सप्टेंबर 2017
31 भाद्रपद 1939

कला आनी संस्कृती संचालनालय आनी पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतिक केंद्र उदयपूर हांच्या जोड पालवान ता. 12 ते 21 जानेवारी 2018 मेरेन दर्यासंगम, कला अकादमी प्रकल्पात लोकोत्सव 2018 चे आयोजन करपात येतले. लोकोत्सवात देशातल्या वेगवेगळ्या राज्यातल्यान सुमार 500 लोककलाकार आपल्या कलेचे प्रदर्शन करतले. तशेंच 10 दीस चलपी ह्या महोत्सवात सुमार 500 ते 600 हस्तकारागिर आनी पारंपारिक खावपाचे जीन्नस विकपी सहभागी जातले.

महोत्सव काळात आपलो स्टॉल घालपाखातीर गोयातले हस्तकारागिर, पारंपारीक दागिने, हातमाग कपडे विकपी, खावपाचे जीन्नस विकपी आनी आप मजत गटाकडल्यान अर्ज मागल्यात.

पारंपारीक हस्तकला आनी फुड स्टॉलाखातीर नोंदणी शुल्क 2000/- आसतले. स्टॉल विभागून दितले. गोंयचे खावपाचे जीन्नस विकपी स्टॉलाक कोयर शुल्क म्हुण दीसाक 500 रूपया (धा दीसाखातीर 5000 रूपया) तर गोंयाभायले अन्न जीन्नस विकपी स्टॉलाखातीर कोयर शुल्क म्हुण दीसाक 1000 रूपया (धा दीसाखातीर 10,000 रूपया) आकारतले. सगळे शुल्क स्टॉल वाटपावेळार भरचे पडटले.

अर्ज पयली येवप्याक पयली ह्या तत्वाचेर ता. 3 ते 6 ऑक्टोबर 2017 मेरेन कला आनी संस्कृती संचालनालय पाटो-पणजी हांगा उपलब्ध आसतले. पूर्ण भरलेले अर्ज ता. 11 ऑक्टोबर 2017 मेरेन सूपूर्द करचे पडटले. उसरा आयिल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना. गोंयाभायल्या हस्तकारागिरानी आनी अन्न जीन्नस विकप्यांनी केल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना.